## खेळां शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 17 एप्रिल 2025

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान खेळां शिश्यवृत्ती खातीर पात्र खेळगड्यां कडल्यान अर्ज मागयल्यात. 2025-26 वर्सा खातीर वट्ट 25 शिश्यवृत्ती दितले.

2024-25 वर्सा राज्य, राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यावयल्या खेळां सर्तींनी गुणवत्ता मेळयिल्ल्या आनी 6 वी ते 12 इयत्तेत शिकपी उमेदवांर शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज करपाक शकतात. हे पयली शिश्यवृत्ती मेळील्ले उमेदवार पात्र आसचे ना.

अर्ज आनी हेर म्हायती उमेदवारांनी खात्याच्या www.dsya.goa.gov.in ह्या वेबसायटीक भेट दिवची. उमेदवारांनी आपले अर्ज 25 एप्रिल 2025 मेरेन dir-spor.goa@nic.in ह्या वेबसायटी वयल्यान सुपुर्द करचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/366

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.